**भारताक भरभराटीचे राष्ट्र करपा खातीर प्रयत्न करपाचो उपराष्ट्रपतीचो उलो**

**उपराष्ट्रपती हस्तुकीं राजभवनाच्या दरबार हॉलाचें उक्तावण**

ता. 4 मार्च 2022

भारत देशाक भरभराटीचे राष्ट्र करपा खातीर लोकांनी केंद्र सरकारान सुरू केल्ल्या आझादी का अमृत महोत्सव कार्यक्रमात सक्रीय सहभाग घेवपाचो उलो भारताचे उपराष्ट्रपती श्री. एम. व्यंकय्या नायडू  हांणी आयज राजभवनाच्या दरबार हॉलाचें उक्तावण केले उपरांत उलयताना मारलो.

राजभवनाच्या दरबार हॉलाच्या उक्तावण सुवाळ्याक राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई आनी हेर मानेस्त हाजिर आशिल्लें.

फुडें उलयताना श्री. नायडू हांणी म्हणलें, आझादी का अमृत महोत्सव सारख्या कार्यक्रमात लोकांच्या सहभागान विंगड विंगड क्षेत्रांत नवीन प्रगती करपाक मदत जातली. आमच्या देशांक स्वतंत्र जावन आयज साडेसात दशकां जावन लेगीत गरिबी, निरक्षरताय, सामाजीक मतभेद अशां आव्हानांक तोंड दिवचें पडटा. आमी ह्यो सामाजीक प्रवृती बदलपाची गरज आसा, तशेंच निरक्षरता पयस करपाक पावलां उबारपाचीय गरज आसा. लोकांनी फुडें येवन ह्या मळार काम करपाक जाय, अशें तांणी सांगलें.

गोंयच्या भेटीत आपूण दरबार हॉलाच्या बांदकामाचो पाठपुरावो करीत आशिल्लो आनी आयज ह्या प्रकल्पात गोंयची सुंदर वास्तुकला दिसून येता. आयज ह्या हॉलाचे उक्तावण करपाक म्हाका खुप खोशी जाता. गोंय हे सैमान भरिल्ले सोबीत राज्य जावन आसा आनी हांगाची संस्कृती, सरबराय संवसारांत फामाद आसा. गोंय हे संवसारीक पर्यटन स्थळ जावन आसा. हांगाचो समान नागरी कायदो हे गोंयचे खाशेलपण आसा, अशेंय तांणी म्हणलें.

लोकशायेच्या बाबतीत भारत देश हेर संवसाराखातीर एक बरे उदाहरण जावन आसा. आमी लोकशायेचो आदर करपाक जाय. आमी भौशीक जीणेत नैतिकता राखपाक जाय. लोकमताचो आदर करपाक जाय.  संविधानीक न्यायाच्या मार्गान चलपाक जाय, अशें उपराष्ट्रपतीन म्हणलें.

स्वातंत्र्या उपरांत भारत देशान सगळ्यां मळार तोखणायेची प्रगती केल्या, पुण आमी केल्ल्या प्रगतीचेर समाधानी रावनासतना आनीक प्रगती करून देशाक भरभराटीचे राष्ट्र करपाक प्रयत्न करपाक जाय. उपराष्ट्रपतीन संवसारांत शांतीकायेची गरज उकतावन आमी हिंसेक आलाशिरो दिवपाक फावना, अशेंय तांणी म्हणलें.

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आपल्या उलोवपात, गोंयच्यो आदल्यो राज्यपाल सर्गेस्त मृदुला सिन्हा हांणी दरबार हॉल बांदपा खातीर बरे पावल मारिल्ल्याचे सांगून हो प्रकल्प पुर्ण करपा खातीर आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रिकर तशेंच सध्याचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सहकार्य दिल्ल्याचे सांगलें.

दरबार हॉलाचे बांदकाम पुर्ण जाल्ल्यान ह्या सोबीत राज्याच्या उदरगतीत भर पडिल्ल्याचेय तांणी म्हणलें.

मुख्य सचीव श्री. पुनीत कुमार गोयल हांणी दरबार हॉल प्रकल्पाची म्हायती दिली.

ह्या वेळार उपराष्ट्रपती हस्तुकीं आदले उपमुख्यमंत्री श्री. सुदीन ढवळीकर, भौशीक बांदकाम खात्याचे प्रधान मुख्य अभियंते श्री. उत्तम पार्सेकर, मुख्य आर्किटेक्ट श्री. मेर्विन गोम्स, आर्किटेक्ट प्रशांत देसाय, सुरूची शिरोडकर आनी कंत्राटदार विन्सेंट डिकॉस्ता हांचो सत्कार केलो.

सुरवातीक राज्यपालांचे सचीव आर. मिहिर वर्धन हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. मुख्य आर्किटेक्ट श्री. मेर्विन गोम्स हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/149

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji